# Aakashwani Panaji Regional news 7.25 am 2/10/2025

आयज दसरो, म्हळयार विजयादशमी. पुराय गोंयभर दसऱ्या निमतान आयजवेगवेगळ्यो धर्मिक आनी सामाजिक कार्यावळी जातल्यो. वर्सभरातल्या साडेतीन शुभम्हूर्तातलो , दसरो १ म्हूर्त. ह्या म्हूर्तार नवी आस्थापनां सुरु करप , घरप्रवेश , वाहन खरेदी करप वा खंयच्याय नव्या कार्याक सुरवात करप शुभ मानतात आनी म्हूण अश्या स्वरुपाच्यो कार्यावळी लेगीत राज्यभरांत आयज व्हडा प्रमाणांत जातल्यो.

---

मुखेल्मंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दसऱ्या निमतान गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं  भेटयल्यात. तानी आपल्या संदेशात म्हणटा, दसऱ्याच्या  शुभ प्रसंगार तुमच्यो सगळयो चिंता पयस जावच्यो आनी तुमची जीण खुशालभरीत, भरभराटीची आनी तुमच्या अपेक्षांच्या पुर्ततायेन भरून जावची . दसऱ्याचो उत्सव देशात व्हडा उमेदीन आनी धार्मिक भावनेन मनोवपात येता.  दसरो हो सद्गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या ईश्वरी जैताचे प्रतिक आसा. प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांच्या विकसित भारत 2047 च्या दिश्टीकोना कडेन सुसंगत रावन आमी “स्वयंपूर्ण गोंय” चे उद्दीश्ट पुराय  करून गोंयची भरभराट करूया अशे तानी मुखार म्हणले.

---

कर्मचारी भरती आयोगान एलडीसीच्या 215 पदां खातीर उमेदवारांची निवड केल्या. कर्मचारी भरती आयोगा वरवीं निवड जाल्लो खंयचो एलडीसी खंयच्या खात्यांत रुजू जातलो? हाची वळेरी जाहीर जाल्या. ही वळेरी कर्मचारी भरती आयोगाचे वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. 215 एलडीसींची 32 विवीध सरकारी खात्यांनी नेमणूक केल्या. आयोगान भरती खातीर 13 डिसेंबर 2024 दिसा जायरात दिल्ली. सीबीटी परिक्षे उपरांत शालांत मंडळा वरवीं कुशळटाय चांचणी जाली. कुशळटाय चाचणी उपरांत दोन दिसांत सगळी प्रक्रिया पुराय जाल्या.

---

रोजांच्या फुलांबाबीन गोंय  आता  स्वंयपुर्ण जाला. एका तेपार सणांखातीर लागपी रोजाची फुलां गोंयांक हेर राज्यातल्यान येतांली, मात आता रोजाच्या पुलांचे पीक घेवपाक  गोंयचे शेतकार येसस्वी जाल्यात. गोंयात २८ हॅक्टर सुवातीत  रोजांच्य फुलाची लागवड जाता अशी म्हायती शेतकी खात्याचे संचालक  संदिप फळदेसाय हांणी दिल्या. गोंयांत हळदुळे आनी केशरी रंगांच्या फुलाचे पीक सुमार  ३८० शेतकार घेतात अशी म्हायती तांणी दिल्या. स्वयंपूर्ण गोंयच्या उपक्रमांतल्यान शेतकारांक केंद्र आनी राज्या कडल्यान दर हेक्टराक ₹75 हजार रुपया  अनुदान मेळटा अशे तानी सांगले.

Byte

---

जोड वीज नियमन आयोगान  दरवाडीक मान्यताय दिल्ल्यान गोंयांत ऑक्टोबर सावन किरकोळ दरवाड जातली. ही दरवाड सामकी उणी आसा. दरवाडी उपरांत लेगीत हेर राज्यां परस गोंयांत वीजेचे दर उणें आसा, अशें वीजमंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी सांगलें.सरासरी वीज दरवाड 4 टक्के आसा. अंदूंच्या वर्सा खातीर खात्यान 5.59 टक्के वाड मागिल्ली. वीज खात्याच्या सगळ्या वाठारानी मुळाव्या सुविधांची कामां सुरू आसा.

---

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31 अंशcelcius आनी उण्यात उणे तापमान 24 अंशcelcius इतले आसतले.

---

गोंय विद्यापीठ 9 ऑक्टोबरक दनपारां 2.30 वरांचेर आपलो फुटबॉल पुरुष पंगड तयार करपा खातीर निवड चांचण्यो घेतले. चांचण्यांक हाजीर रावपाची इत्सक विद्यार्थ्यांनी 2:00 वरांचेर गोंय विद्यापिठाच्या खेळां विभागांत कॉलेजीची वळखपत्र, आधार कार्ड, जल्म प्रमाणपत्र आनी खेळपाची किट घेवोन हाजर रावच अशे विद्यापीठन कळीत केला